नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :11 /03/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 pm

**मुखेल खबरो :-**

- **oxford university तशेच tata memorial hospital च्या जोडपालवान गोडे मुताचे दुयेस,केन्सर,काळजाची दुयेसा तशेच कीडणीच्या दुयेसाचेर उपचार दीवपाखातीर खासा अभ्यास जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.**

- **प्रधानमंत्री गरीब अन्न कल्याण येवजणे खाला राज्यांत फाटल्या धा म्हयन्यांत २६ हजार मेट्रीक टन इतलें कड्डण फावो जालां अशी म्हायती अन्न आनी नागरी पुरवण मंत्रालयान दिल्या.**

- **गोंयभरांतल्या वेगवेगळ्या भलायकी केंद्रांनी प्रयोगशाळा सुदारपा विशीं चर्चा करपा खातीर Abbott company च्या अधिकाऱ्यां कडेन आयज भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बसका घेतली.**

- **पणजे शिगमोत्सवाची सुरूवात 14 मार्चाक गुलालउत्सवान जातली आनी उपरांत 22 मार्चाक चित्ररथाची मिरवणुक जातली अशी म्हायती पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांणी दील्या.**

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार

रश्मि

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज longituudinal cohort study On NCD's launch केली.ह्या उपक्रमावरवी गोडे मुताचे दुयेस,केन्सर,काळजाची दुयेसा तशेच कीडणीच्या दुयेसाचेर उपचार दीवपाखातीर खासा अभ्यास जातलो. सुरवेक गोंयच्या 1 लाख नागरीकांची ह्या अभ्यासावरवी तपासणी आनी उपचार सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

oxford university तशेच tata memorial hospital च्या जोडपालवान हे संशोधन जातले. संबंधीत दुयेसा,ती जावपाची कारणा,तशेंच गोंयचे पर्यावरण,खाणा जेवणाची पद्धत,राहणीमान,तशेंच वंशीकतायेचो नियाळ घेवन ही दुयेसा जावपाची कारणा आनी ते प्रमाण उपचार दीवपाचे काम ह्या उपक्रमावरवी जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

पर्वरे मंत्रालयात जाल्ल्या ह्या कार्यावळीक मुखेल सचीव वी केन्डावेलु, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे डीन दोतोर शिवानंन्द बांदेकार,tata memorial hospital चे प्रतीनीधी हाजीर आशील्ले

गणेश

प्रधानमंत्री गरीब अन्न कल्याण येवजणे खाला राज्यांत २६ हजार मेट्रीक टन इतलें कड्डण फाटल्या धा म्हयन्यांत राज्यांक फावो जालां. राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो (एनएफएसए) खाला येवपी राशन कार्ड धारकांक हे येवजणे खाला कड्डण फुकट मेळटा, अशी म्हायती अन्न आनी नागरी पुरवण मंत्रालयान दिल्या. राज्यसभेच्या पटलार लेखी जाप दितना केंद्रीय अन्न आनी नागरी पुरवण राज्य मंत्री निमुबेन जयंतीभाई बांभणिया हांणी ही म्हायती दिल्या.

देशांत एनएफएसए खाला ८१.३५ कोटी लावार्थ्यां मदल्या ८०.५६ कोटी लोकांक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला फुकट कड्डण मेळून एनएफएसचे ९९.०३ टक्के नागरीकांचो आस्पाव हे येवजणे खाला जाला. एनएफएसए सकयल राज्य पात्र घराब्यांक अंत्योदय अन्न येवजण (एएव्हाय) आनी प्रायोरीटी हावसहोल्ड (पीएचएच) कार्डां दितात आनी हांकां हें कड्डण फुकट मेळटा. एप्रील २०२४ ते फेब्रुवारी २०२५ मेरेन गोंय राज्यांक प्रधानमंत्री गरीब अन्न कल्याण येवजणे खाला २६,६९० मेट्रीक टन कड्डणाची पुरवण जाल्या. तातुंतलें उत्तर गोंयाक १३,०६४ मेट्रीक टन आनी १३,६२६ मेट्रीक टन इतल्या कड्डणाची पुरवण जाल्या.

105 जाण

प्रधानमंत्री स्वनिधी येवजणे खाला राज्यातलें १३०२ लावार्थी रीण घेवपांक पात्र थारल्यात अशी म्हायती गोंय शार उदरगत संस्थेन दिल्या. प्रधानमंत्री स्वनिधी येवजणे खाला तीन पांवड्यांनी रीण घेवपाची तरतुद आसा. पयले खेपे १० हजार मेरेन रीण घेवपाक मेळटा. हे

पुराय रीण १२ म्हयन्यांनी भरल्यार रीण घेवपाची मर्यादा ३० हजारा मेरेन पावता आनी तें भरले उपरांत ही मर्यादा ५० हजार मेरेन पावता. ह्या रिणाचो कार्यकाळ एक वर्सांचो आसा. तिसऱ्या पांवड्यार ५० हजार मेरेन रीण घेवपा खातीर ४२२ जाणांनी अर्ज केलां. तांतूल्या ३५१ अर्जांक मान्यताय मेळळ्या. हे येवजणे खातीर १ कोटी ७६ लाख मंजुर केल्यात आनी १ कोटी ६६ इतलो निधी खर्च केलां. ह्या रीणाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसा.

रश्मि

गोंयभरांतल्या वेगवेगळ्या भलायकी केंद्रांनी प्रयोगशाळा सुदारपा विशीं चर्चा करपा खातीर Abbott company च्या अधिकाऱ्यां कडेन आयज भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बसका घेतली. . लोकांक गरजेच्यो भलायकी उपचार चांचण्यो वेळात करून मेळच्यो हे खातीर निदान क्षमता वाडोवप, उपचाराखातीर प्रवास उणो करप आनी भलायकी सेवात सुदारणा करप हाचेर भर दिवच्या हेतान ही यंत्रणा भलायकी खाते सक्षम करता अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

भलायकी मळावेल्या मुळाव्या साधनसुविधांचें मुल्यांकन करपा खातीर आनी सुदारणा करपाचे नदरेतल्यान Abbott company भलायकी मळावेल्यि सरकारी यंत्रणांचे सर्वेक्षण बेगीनुच करतले अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

प्रधानमंत्री स्वनिधी येवजणे खाला राज्यातलें १३०२ लावार्थी रीण घेवपांक पात्र थारल्यात अशी म्हायती गोंय शार उदरगत संस्थेन दिल्या. प्रधानमंत्री स्वनिधी येवजणे खाला तीन पांवड्यांनी रीण घेवपाची तरतुद आसा. पयले खेपे १० हजार मेरेन रीण घेवपाक मेळटा. हे पुराय रीण १२ म्हयन्यांनी भरल्यार रीण घेवपाची मर्यादा ३० हजारा मेरेन पावता आनी तें भरले उपरांत ही मर्यादा ५० हजार मेरेन पावता. ह्या रिणाचो कार्यकाळ एक वर्सांचो आसा. तिसऱ्या पांवड्यार ५० हजार मेरेन रीण घेवपा खातीर ४२२ जाणांनी अर्ज केलां. तांतूल्या ३५१ अर्जांक मान्यताय मेळळ्या. हे येवजणे खातीर १ कोटी ७६ लाख मंजुर केल्यात आनी १ कोटी ६६ इतलो निधी खर्च केलां. ह्या रीणाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसा.

110

गोंयच्या राज्य पांवड्यावेल्या बँकर्स समितीची 128वी बसका आयज जाली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हाजीर आशील्ले . तशेच मुखेल सचीव वि. कांतावेलु, एसएलबीसी गोंयचे सरव्यवस्थापक आनी संयोजक राम सिंह, भारतीय

रिझर्व्ह बँक गोंयचे प्रादेशिक संचालक प्रभाकर झा, आनी राज्यांत वावुरपी वेगवेगळ्या बँकांचे प्रादेशिक मुखेली ह्यावेळार हाजीर आशील्ले.

गोंयात दर 5 किलोमीटरांच्या अंतराचेर बँक शाखा स्थापन करपाक बॅक वेवस्थापन गोयात येसस्वी थारला फुडारात दर 3 कीलो मीटर अंतराचेर बँकीच्यो शाखा आसच्यो अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यानी केला . तशेंच गोंय आनी केंद्र सरकाराच्यो समाज कल्याण येवजण्यो चालीक लावपाक बॅकींनी केल्ल्या कामाची मुखेलमंत्र्यान तुस्त केल्या. आप मजत गटांक अर्थिक रित्या सक्षम करपाक बॅकांची महत्वाची भुमिका आसा अशेय मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

रश्मि

पणजे शिगमोत्सवाची सुरूवात 14 मार्चाक आझाद मैदानावेल्या गुलालउत्सवान जातली .ते उपरांत 22 मार्चाक शिमग्याची चित्ररथाची मिरवणुक जातली अशी म्हायती पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष आनी नामनेचू उद्‌देजक श्रीनिवास धेंपो हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या. तशेच शिमग्याच्या काळान पाच दीस सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला. पणजे शारात स्मार्ट सिटीचे काम सुरू आशिल्ल्या कारणान अंदु शिगम्याची चित्ररथ परेड दयानंद बांदोडकर रस्त्यावेल्यान सुरू जातली अशी म्हायती श्रीनिवास धेंपो हांणी दील्या.

दर वर्सा पणजी शिमगोत्सव समिती 3 कलाकारिंचो सत्कार करता.अंदु मुर्तीकार संतोश गांवकार,नाट्यकलाकार दामोदर नायक,आनी तियित्रिस्त आवेतो फर्नांडीस हांचो सत्कार समिती करतली अशे धेंपो हांणी सांगले. गोंयची गिरेस्त कला आनी संस्कृतायेचे दर्शन शिमग्यातल्यान जाता.फाटल्या 37 वर्सा सांवन पणजी शिमगोत्सव समिती पणजेत शिमग्याची कार्यावळ आयोजित करता अशे तांणी सांगले.

ह्या पत्रकार परीशदेक पणजी म्हापालीकेचे नगराध्यक्ष रोहीत मोन्सेरात,तशेच पणजी शिमगोत्सव समितीचे वांगडी मंगलदास नायक आनी शांताराम नायक हाजीर आशील्ले.

सुशांत

दक्षिण गोंयांतल्या आदिवासी वाठारात पारंपारिक शिगम्याक सुरुवात

दक्षिण गोंयांतल्या आदिवासी समाजाचाे मोठ्या प्रमाणात आस्पाव आशिल्ल्या केपे तालुक्यातल्या मोरपिर्ला आनी हेर गांवांनी पारंपारिक शिगम्याक सुरुवात जाल्या. रंगीबेरंगी

पोशाख आनी माथ्याक आनी गळ्यात फुलांचे तुरे आनी हार घालून नाचपी खेळगडी सध्या आता गावागावांनी दिसूंक लागल्यात. गावागांवांनी शिगम्याचे मेळ सुरु जाल्यात आनी ते खातीर लोकांमदीं उमेदीचे वातावरण आसा.

मोरपिर्ला हांगाचो शिगमो आयतारा ९ मार्चसावन सुरु जाल्लाे आसा आनी ११ मार्चमेरेन तो चलतलो. खोल, बेतूल, बाळ्ळी, बार्शे आनी कावरे-पिर्ला या पंचायत वाठारांनी शिगमो खेळपाखातीर मेळ भायर सरल्यात अशी म्हायती मोरपिर्ला हांगाच्या पायक गावकार ह्या तरणाट्यान दिली. फुडले तीन दीस मोरपिर्ला, कानीबाग आनी बेंदुर्डे ह्या गावात हो मेळ नाचतलो. ह्या दिसांनी ह्या गावांतले लोक पुराय शाकाहारी आहार घेतात. आनी शिगम्यात वांटेकार जावपी खेळगडे पायात जोती घालीनासतना ह्या दिसांनी वावुरतात अशें तांणी सांगलें.

80

काणकोण वाठारांतल्यान ९१३ कांसवांची पिलां दर्यात सोडली

काणकोण तालुक्यातल्या गालजीबाग आनी आगोंद ह्या दोन कांसव पैदास सुवातींवयल्यान आतामेरेन वट्ट ९१३ कांसवांची पिलां दर्यात सोडल्यात अशी म्हायती काणकोणच्या राना खात्यांतल्यान मेळ्ळ्या. काल वट्ट ८२ पिलां दर्यात सोडली.

काणकोणचे गालजीबाग आनी आगोंद ह्या दोनूय दर्यादेगो कांसव संरक्षीत जागो म्हणून जाहीर केल्ले आसून अंदूं वर्सा ह्या दोनूय सुवातींनी तांतयां घाल्ली. तातूंतल्यान ९१३ पिलां भायर आयली. जाल्यार ११४ तांतयांतल्यान पिलां भायर येवंक नात अशी म्हायती रान खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. गालजीबाग हांगासावन २२९ जाल्यार आगोंदसावन ६८४ पिलां उदकात सोडल्यात अशी म्हायती ह्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

संतोष

वास्को शांतीनगर नवेवाडें हांगसल्लो नवो आनी पोरनो अशें दोनुय पुल फुडाराक येरादारी खातीर उकते उरले म्हणपाची म्हायती पंचायतमंत्री माविन गुदीनो हाणें दिल्या.

शांतीनगर नवेवाडें हांगा नव्या रेल्वे पुलाचें काम सुरू जावपा आशिल्ल्यान पोरनो पुल येरादारी खातीर बंद दवरपाची घोषणा दक्षिण गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान केल्ली. थाळाव्या लोकांच्यो अडचणी मतीन घेवन मंत्री गुदीनो हाणें आयज नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार आनी सरकारी अधिकाऱ्यांक घेवन सुवातेची पळोवणी केली. उपरान्त उलयताना गुदीनो हाणें

म्हळा, की नवो आनी पोरनो अशे दोनुय पुल येरादारी खातीर उकते उरतले. तशेंच जी बांधकामां आडमेळ्यो हाडटात ती कुशिक काडून फुडल्या वर्स भरा भितर पुराय वाठाराक वेगळीच सोबीतकाय येतली म्हणपाची म्हायती पंचायतमंत्री माविन गुदिनो हाणें दिल्या.

आय एमडी

पुढले दोन दिस गोयत चडात चड तापमान 36 ते 37 अंश सेल्सिअस मेरेन आसपासची शक्यताय पणजी वेधशाळेंन उकतायला. ते खातिर हवामान खात्यात उष्णतायेचं येल्लो अलर्ट जारी केला. फाल्या मेरेन गोयत काय वाठारांनी उष्ण आणि दमट वातावरण आसपाची शक्यताय आसा. पणजीत सर्वाधिक 34.4 **°C** सेल्सिअस कमाल तापमान नोंद जाला जाल्यार किमान **23.5 °C** सेल्सिअस तापमान नोंद जाला. मात फाटल्या कांय दिसां सावन सकाळच्या वेळार गांवांनी तशेंच शारांनूय धुकें पातळिल्लें पळोवपाक मेळटा.

**आता परतून एक फावट मुखेल खबरो**

- **oxford university तशेच tata memorial hospital च्या जोडपालवान गोडे मुताचे दुयेस,केन्सर,काळजाची दुयेसा तशेच कीडणीच्या दुयेसाचेर उपचार दीवपाखातीर खासा अभ्यास जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.**
- **प्रधानमंत्री गरीब अन्न कल्याण येवजणे खाला राज्यांत फाटल्या धा म्हयन्यांत २६ हजार मेट्रीक टन इतलें कड्डण फावो जालां अशी म्हायती अन्न आनी नागरी पुरवण मंत्रालयान दिल्या.**
- **गोंयभरांतल्या वेगवेगळ्या भलायकी केंद्रांनी प्रयोगशाळा सुदारपा विशीं चर्चा करपा खातीर Abbott company च्या अधिकाऱ्यां कडेन आयज भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बसका घेतली.**
- **पणजे शिगमोत्सवाची सुरूवात 14 मार्चाक गुलालउत्सवान जातली आनी उपरांत 22 मार्चाक चित्ररथाची मिरवणुक जातली अशी म्हायती पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांणी दील्या.**

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार